**Akashwani Panaji 5th July 2026 National news 8.40 am**

- **प्रधानमंत्री मोदी हांणी राजस्थानांत एक लाख 5 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण केलेआणि बुनियादी फातर बसयलो.**
- **प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी प्रादेशिक हवाई जोडणी येवजण विकसित उडानाचो फुडलो पांवडो सुरू केला.**
- **ऑस्ट्रेलियन प्रधानमंत्री अँथनी आल्बानीसान भारताची मुखेल अर्थीक भागीदार म्हूण तोखणाय केल्या**
- **केंद्रीय पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी इथेनॉल ही नवी संकल्पना न्हय आनी ती एक शेंकड्या परस चड काळ वापरांत आसा अशें सांगलां.**

-----------------------------------------------

pm guj

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल गुजरातांतल्या सनंद शारांत सीजी सेमीच्या अत्याधुनीक आउटसोर्सड सेमीकंडक्टर आनी चांचणी प्लांटाचें उक्तावण केलें. ह्या कार्यावळींत केंद्रीय मंत्री अश्विनी वैष्णव आनी गुजराताचे मुख्यमंत्री भूपेंद्र पटेल हांचे वांगडा संवसारीक तंत्रगिन्यानाचे फुडारी हाजीर आशिल्ले. 7,500 कोटी रुपयां परस व्हड गुंतवणूक करून विकसीत केल्ल्या हे प्रगत सुविधेची वर्सुकी उत्पादन क्षमता 5 अब्ज अर्दवायू चिपां मेरेन आसतली. सनांद हांगाच्या सीजी सेमी सुविधेक लागून देशी चिप उत्पादन पर्यावरण प्रणाली घटमूट जातलीच पूण तंत्रीक आत्मनिर्भरताय वाडटली आनी संवसारीक अर्दवायू मोल साखळींत भारताची सुवात वाडटली अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी मेळाव्याक मार्गदर्शन करतना सांगलें. प्रधानमंत्री मोदी हानी , सनंद प्लांट वर्साक 20 कोटी चिप्स तयार करपाक सज्ज आसा आनी वर्साक 500 कोटी चिप्स मेरेन उत्पादन वाडोवपाचें महत्वाकांक्षी फुडाराचें ध्येय दवरपा खातीर तांणी सीजी सेमीची तोख्णाय केली

-----------------------------------------------

राधाकृष्णन

उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन हानी मतदार वळेरीच्या खाशेले सघन पुनरावलोकन' प्रक्रियेअंतर्गत माहितीचो विहित नमुना भरून सादर केलो. मतदार वळेरीच्या सुरू आशिल्या खाशेले सघन पुनरावलोकन' प्रक्रियेचो एक भाग म्हणून, दिल्लीचे मुख्य वेचणूक अधिकारी, तसेच जिल्लो वेचणूक अधिकारी, मतदार नोंदणी अधिकारी हांणी ही माहिती संकलन प्रक्रिया पार करपाक मदत केली, अशी माहिती उपराष्ट्रपतींनी सोशल मीडियार एका पोस्टात दिली. Byte

-----------------------------------------------

pm rajasthan

प्रधानमंत्री मोदी हांणी राजस्थानांत एक लाख 5 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण केलेआणि बुनियादी फातर बसयलो. राज्यांतल्या मुळाव्या साधनसुविधा, उर्जा, येरादारी आनी रोजगार निर्मितीकी चालना मेळ्या .प्रधानमंत्र्यानी  जोधपूर विमानतळार नव्या टर्मिनल इमारतीचें उक्तावण केलें. उपरांत ताणी देशांतलें सगळ्यांत आधुनीक ग्रीनफील्ड शुध्दीकरण-सह-पेट्रोकेमिकल संकुल बालोतारा जिल्ह्यांतल्या पचपद्रा हांगा राष्ट्राक समर्पित केलें. हे  अविकसीत नितळ जमनीचेर सुरवाती सावन बांदिल्लो उद्देगीक प्रक्रिया प्रकल्प जावन आसा. तशेंच ताणी  शुध्दीकरण कारखान्याच्या अत्याधुनीक नियंत्रण कक्षाची तपासणी केली, अभियंते आनी तंत्रीक तज्ञां कडेन संवाद सादलो, आनी जयपुर मेट्रो फेज-II खातीर  बुन्यादी फातर बसयलो .

-----------------------------------------------

Pm

दुसऱ्या आनी तिसऱ्या स्थाराच्या शारांनी आनी पयसुल्ल्या वाठारांनी हवाई प्रवासाक चालना दिवपा खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी प्रादेशिक हवाई जोडणी येवजण विकसित  उडानाचो फुडलो पांवडो सुरू केला.विकसित उड्डाण  येवजण सुरू

जाल्ल्यान भारताच्या प्रादेशिक जोडणी प्रवासाचो फुडलो अध्याय थारतलो अशें नागरी विमानन मंत्री राममोहन नायडू हांणी उक्तायलें. प्रधानमंत्री मोदी हांणी 28,840 कोटी रुपयां परस चड खर्च करून सुरू केल्ले हे येवजणेक लागून दुसऱ्या आनी तिसऱ्या स्थाराच्या शारांनी जोडणी घटमूट जातली. हे येवजणे वरवीं शंबरां वयर नवे विमानतळ आनी 200 हेलीपॅड तयार करपाक सुविधा मेळटली, लोकांचे परवडपी हवाई प्रवासाचें सपन साकार जातले. जोधपूर विमानतळार नव्या टर्मिनलाच्या उक्तावणाचो उल्लेख करतना नायडू हांणी , संवसारीक दर्ज्याची ही सुविधा मारवाड वाठारांत जोडणी घटमूट करतली आनी तेच बरोबर पुराय राजस्थानांत पर्यटन, वेपार, अर्थीक वाड हांचे खातीर नवे मार्ग उक्ते करतले अशे सांगले .

---------------------------------------------

Pm

ऑस्ट्रेलियन प्रधानमंत्री अँथनी आल्बानीसान भारताचो मुखेल अर्थीक भागीदार म्हूण तोखणाय केल्या.संवसारांतली चवथी व्हडली आनी नेटान वाडपी अर्थवेवस्था म्हणून भारत ऑस्ट्रेलिये खातीर म्हत्वाचो अर्थीक भागीदार थारता अशें ऑस्ट्रेलियन प्रधानमंत्र्यांनी एका निवेदनांत सांगलां. आमच्या संबंदाकव्यापक रणनिती भागीदारीचो आदार आसा आनी खोलायेन अर्थीक आनी सांस्कृतीक संबंदांचो आदार आसा अशे अल्बनीस हानी म्हणले . वेपार, संरक्षण, सुरक्षा आनी तंत्रगिन्यानाचेर आमचो सहकार दोनूय देशांक फायदो दिता अशें तांणी मुखार सांगलें. भारत आनी ऑस्ट्रेलिया हांचे द्विपक्षीय संबंद घटमूट करपाचो यत्न केल्ल्यान ऑस्ट्रेलिया-भारत वर्सुकी फुडाऱ्यांच्या शिखर सभे खातीर मेलबर्नांत दोनूय फुडारी मेळटले अशें निवेदनांत म्हणलां. हाचे पयली प्रधानमंत्री आल्बानीस अणि प्रधानमंत्री मोदी हांची नोव्हेंबर 2025 वर्सा जोहान्सबर्गांत जावपी जी-20 शिखर सभेच्या फाटभुयेर भेट जाल्ली .प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सावन इंडोनेशिया, ऑस्ट्रेलिया आनी न्यूझीलंडांत तीन राश्ट्रांच्या अधिकृत दौऱ्यार आसतले

-----------------------------------------------

Monsoon

संसदेचें पावसाळी अधिवेशन ह्या म्हयन्याच्या 20 तारखेक सुरू जातलें आनी 13 ऑगस्ट मेरेन चालू उरतलें . 20 जुलय सावन संसदेचें पावसाळी अधिवेशन आपोवपाच्या सरकाराच्या प्रस्तावाक राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी मान्यताय दिल्या अशी म्हायती संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हाणी दिली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत रिजिजू हांणी , ह्या अधिवेशनांत अर्थपूर्ण वादविवाद, चर्चा आनी राष्ट्रीय म्हत्वाच्या प्रस्नांचेर निर्णय घेवपाचेर भर दितले अशे सांगलें .

-----------------------------------------------

वैष्णव

केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव यांनी विश्वास व्यक्त केला की, अहमदाबाद आणि मुंबयक जोडपी पुराय 'हाय-स्पीड रेल कॉरिडॉर' २०२९ च्या अखेरक पुराय जातलो. गुजरातात सुरू आशिल्या विविध रेल्वे प्रकल्पांचो नियाळ घेतल्या उपरांत अहमदाबदात प्रसारमाध्यमांकडे उलयताना मंत्र्यांनी सांगले की, मुंबय-अहमदाबाद बुलेट ट्रेन प्रकल्पाचे काम वेगान सुरू असून, गुजरात विभागात ८० टक्के काम पयलीच पूराय जाला. बाईट - अश्विनी वैष्णव

-----------------------------------------------

Puri

केंद्रीय पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी इथेनॉल ही नवी संकल्पना न्हय आनी ती एक शेंकड्या परस चड काळ वापरांत आसा अशें सांगलां. राजस्थानांतल्या सभाघरांत उलोवप करतना पुरी हांणी सरकाराच्या जैव इंधन मिश्रण कार्यावळीचेर रचनात्मक टिका करपाक सरकार येवकार दिता अशें सांगलें आनी सरकार आपल्या वावरांत सुचोवण्यो आस्पावन घेतलो आनी गरजेच्यो दुरुस्त्यो करतले अशें आश्वासन दिलें. भारतांत इथेनॉल मिश्रणाची कल्पना पयली

काँग्रेस सरकाराच्या काळांत सुरू जाल्ली अशेंय पुरी हांणी सांगलें. 2006 ते 2008 ह्या काळांत ब्राझीलांत भारताचो राजदूत म्हणून काम केल्ल्याचो उगडास करून तांणी , धा राज्यांनी आनी संघराज्यांत पांच टक्के इथेनॉल मिश्रण करपाचें लक्ष्य थारायल्लें पूण त्या वेळार फकत 1.4 टक्के मिश्रण साध्य जावंक शकतालें अशे तांणी सांगलें .

-----------------------------------------------

Jaishankar

विदेश वेव्हार  मंत्री dr  एस जयशंकर आयज सावन ह्या म्हयन्याचे 10 तारखे मेरेन कतार, बहरीन, कुवेत आनी ओमानाच्या   अधिकृत दौऱ्यार  आसतले. ह्या देशांच्या भेटी वेळार dr जयशंकर आपल्या समकक्षांची भेट घेवन संवाद सादतले . हे भेटींत भारताचे देशां कडेन आशिल्ले द्विपक्षीय संबंद वाडोवपाचेर भर दितले आनी तशेंच प्रादेशिक घडामोडींचेर आनी परस्पर हितसंबंदीत प्रस्नांचेर मतांचो आदान-प्रदान करपाची संद मेळटली अशे विदेश वेव्हार मंत्रालयानं सांगला. ओमान भेटी उपरांत dr जयशंकर 13 जुलयाक न्यूयॉर्काक भेट दिवन संयुक्त राष्ट्र सुरक्षा मंडळाच्या 2028-29 कार्यकाळा खातीर भारताची अधिकृत मोहीम सुरू करतले. उपरांत ते  तिसरे भारत-युरोपीय संघ वेपार आनी तंत्रज्ञान परिशदेचे बसकेक हाजीर रावतले

-----------------------------------------------

nagaland

नागालँडाचे मुख्यमंत्री Neiphiu Rio हांणी एग्री एक्स्पोंत मुख्यमंत्रीच्या  कॉर्पस निधी खाला 35 ट्रॅक्टर आनी स उपयुक्त वाहनां दिली. लावाथ्र्यांक मार्गदर्शन  करतना मुख्यमंत्री रिओ हानी   नागालँडाचे  सुमार 70 टक्के लोक शेतकामांत गुंतल्यात, जाका लागून शेतवडी ही राज्याचे अर्थवेवस्थेची फाटीची कणो जाल्या अशे सांगले . राज्यात  पिकाळ जमीन आसा अशें सांगून शेतकारांक आधुनीक शेतकी पद्दत

आपणावून उत्पादकता वाडोवपाक आनी आपलें उदरनिर्वाह सुदारपाक प्रोत्साहन दिलें.

-----------------------------------------------

Imd

फुडल्या कांय दिसांनी देशांतल्या व्हड वाठारांनी पावसाच्या व्हड प्रमाणांत पावस पडटलो अशें भारतीय  हवामान खात्यान सांगलां. बंगालच्या वायव्य वाठारांत फुडल्या चार ते पांच दीसानी  मध्य भारतांत पावस सक्रिय उरपाचो  अदमास आसा अशें हवामान खात्यान कळयला . मजगती गोयांत4 ते 10 जुलय ह्या काळांत पावसाचो येलो अलर्ट जारी केल्या.

-----------------------------------------------

T20

दादल्यांच्या क्रिकेटांत काल मॅन्चेस्टरांतल्या ओल्ड ट्रॅफर्डांत जाल्ल्या पांच मॅचींच्या मालिकेच्या दुसऱ्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत इंग्लंडान भारताक 4 विकेटींनी हारयलो.

-----------------------------------------------

प्रधानमंत्री मोदी हांणी राजस्थानांत एक लाख 5 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण केलेआणि बुनियादी फातर बसयलो.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी प्रादेशिक हवाई जोडणी येवजण विकसित  उडानाचो फुडलो पांवडो सुरू केला.

ऑस्ट्रेलियन प्रधानमंत्री अँथनी आल्बानीसान भारताची  मुखेल अर्थीक भागीदार म्हूण तोखणाय केल्या

केंद्रीय पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी इथेनॉल ही नवी संकल्पना न्हय आनी ती एक शेंकड्या परस चड काळ वापरांत आसा अशें सांगलां.